**लोकशाय वेवस्थेचो फुडार लोकांच्या हातांत आसा- राज्यपाल**

ता. 27 जानेवारी 2025

लोकशाय वेवस्थेत जनताच सर्वश्रेश्ठ आसता. लोकशाय वेवस्थेचो फुडार लोकांच्या हातांत आसता. जनता आपल्या फुडाराचो स्वता निर्णय घेता आनी आपलो प्रतिनिधी निवडून हाडटात, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी मुख्य वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान एनआयओ, दोनापावला हांगा शेनवारा दिसा आयोजीत 15 व्या राष्ट्रीय मतदार दीस कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

फुडें उलयतना राज्यपालान सांगलें, स्वातंत्र्या उपारंत भारत देशान स्वताचे संविधान तयार करपा वांगडाच लोकशाय संसदीय वेवस्था अमलात हाडली आनी भारत सार्वभौम आनी लोकशाय राष्ट्र जाले. ते उपरांत देशान अनेक वेंचणूको यसस्वी केल्यो, आयज भारत संवसारांतली व्हड लोकशाय वेवस्था आसा, अशें तांणी सांगलें.

वेंचणूक प्रक्रियेत नागरिकांचो सहभाग वाडोवपा खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगाचे प्रयत्न आसता. नागरिकांचे मतदान हक्क आनी वेंचणूक प्रक्रियेविशीं जागृताय करपा खातीर आयोगा वतीन अनेक कार्यक्रम आयोजीत करतात. वेंचणूक प्रक्रियेतलो नागरिकांचो सहभाग आनी संबंदीत यंत्रणांच्या प्रयत्नांक लागून आयज आमची लोकशाय मजबूत जाल्ली आसा, अशें राज्यपालान सांगलें.

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू हांणीय आपल्या उलोवपात मुक्त आनी न्याय्य वातावरणात वेंचणूक प्रक्रिया पुर्ण करपा खातीर वेंचणूक आयोगा कडल्यान जावपी प्रयत्नांची तोखणाय केली.

ह्या वेळार राज्यपाला हस्तुकीं वेंचणूक प्रक्रियेत समर्पित भावनेन सेवा करपी अधिकाऱ्यांचो सत्कार केलो. तशेंच राज्य वेंचणूक आयोगान आयोजीत केल्ल्या विंगड विंगड सर्तीच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली.

उत्तर गोंय जिल्होधिकारी डॉ. स्नेहा गीते, सहाय्यक जिल्हाधिकारी पल्लवी मिश्रा, राज्य वेंचणूक आयुक्त दौलत हवालदार, उपजिल्हाधिकारी मयंक च्यारी, डीआरडीए प्रकल्प संचालक श्रीमती दिपाली नाईक आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक अतिरिक्त मुख्य वेंचणूक अधिकारी सुनिल मसुरकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/102

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.